Panaji National 27th April 2026 8.40am

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान हिमाचल प्रदेशच्या पाच दिसांच्या भोंवडेर वतात.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन दोन दिसांच्या सिक्किम भोंवडेर वतले.
- अस्तंत बंगालांतल्या विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या आनी निमाण्या टप्प्या खातीरचो प्रचार आज सोंपता.
- भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदीं आज नवी दिल्लींत मुक्त वेपार कबलातीचेर सयो जातल्यो.
- आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं जाल्ल्या खेळांत कोलकाता नाइट रायडर्सान लखनौ सुपर जायंटसाक सुपर ओव्हरीत हारयलो.

Prez HP –
राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू गिमाच्या मुक्कामाखातीर आयच्यान हिमाचल प्रदेशाच्या पांच दिसांच्या भोंवडेर आसतल्यो. आपल्या भेटी वेळार राष्ट्रपती शिमलाच्या मशोबरात राष्ट्रपती निवासांत रावतल्यो. मंगळारा सिमलातल्या लोक भवनांत हिमाचल प्रदेशाच्या राज्यपालांनी दिल्ल्या मेजवानीक राष्ट्रपति हाजीर रावतल्यो. बुधवारा राष्ट्रपति मुर्मू 'अटल टनलाक भेट दितल्यो. बिरेस्तारा पालमपूरात जावपी 'चौधरी सरवण कुमार हिमाचल प्रदेश कृषी विश्वविद्यालयाच्या' पदवीदान सुवाळ्याक त्यो हजर रावतल्यो. त्याच दिसा, राष्ट्रपति मशोब्रांतल्या राष्ट्रपति निवासांत At-Home कार्यावळीचें आयोजन करतल्यो. आपल्या भोंवडेच्या निमण्या दिसा, म्हळ्यार फुडल्या म्हयन्याच्या १ तारखेर, राष्ट्रपति सिमल्यांतल्या 'आर्मी ट्रेनिंग कमांड' हाकाय भेट दितल्यो.

PM Sikkim –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन दोन दिसांच्या सिक्किम भोंवडेर आसतले. ते पालजोर स्टेडियमांत सिक्किम राज्यच्या स्थापना दिसाच्या ५० व्या वर्धापन दिसाच्या समारोप सुवाळ्यातुय वांटो घेतले. ह्या निमतान, मोदी राज्यभर चार हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. थंय पावतकच प्रधानमंत्री आयज दनपारां बिराळू द्वार ते एमजी मार्ग मेरेनच्या रोड शोंत वांटो घेतले. उपरांत भाजपा कार्यकर्त्यां कडेन संवाद सादतले.

PM UP –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मंगळारा सावन उत्तर प्रदेशाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर आसतले. आपल्या भोंवडेच्या पयल्या टप्प्यांत, मोदी वाराणसींत 'महिला संमेलनांत' वांटो घेतले, जंय ते स हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेग वेगळ्या विकास प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. प्रधानमंत्री दोन नव्या अमृत भारत एक्सप्रेस गाड्यांकय पांचवो बावटो दाखयतले, ह्यो बनारस-पुणे (हडपसर) आनी अयोध्या-मुंबई (लोकमान्य टिळक टर्मिनस) ह्या मार्गांचेर धांवतल्यो. भोंवडेच्या दुसऱ्या टप्प्यांत, प्रधानमंत्री बुधवारा हरदोईक वतले आनी थंय 'गंगा एक्सप्रेसवे'चें उक्तावण करतले.

PM –

देशांत चालू आशिल्ली जनगणना प्रक्रिया फकत सरकारचें काम न्हय, तर ती सगल्या नागरिकांची जापसालदारकी आसा, आनी हातूंत दर एकाचो सहभाग मोलाचो आसा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें . ते काल आकाशवाणीवेल्या 'मन की बात' कार्यावळींत उलयताले. दर एका भारतीयाक ह्या संवसारांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या जनगणना मोहिमेविशीं माहिती आसूंक जाय अशें तांणी म्हळें. Byte census -29

VP Andhra –

उप-राष्ट्रपति सी. पी. राधाकृष्णन आयज सावन दोन दिसांच्या आंध्र प्रदेश भोंवडेर वतले. ह्या भेटी वेळार आयज विशाखापत्तनमांत आंध्र विद्यापिठाच्या शताब्दी सुवाळ्याक उपराष्ट्रपती हाजीर रावपाचे आसात.

Shah Ladakh –
केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह ह्या म्हयन्याच्या ३० तारखेर लडाखाच्या दोन दिसांच्या भोंवडे निमतान लेहाक वतले. लडाखाचे नायब राज्यपाल व्ही. के. सक्सेना हांणी सोशल मीडियाचेर केल्ल्या एका पोस्टा वरवीं शाह हांच्या भोंवडे विशीं सांगलें, हाजे वेल्यान ह्या वाठाराच्या विकासा खातीर केंद्र सरकारची बांधीलकी दिसून येता अशें तांणी म्हळें.

WB –
अस्तंत बंगालांतल्या विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या आनी निमाण्या टप्प्या खातीरचो प्रचार आज सोंपता. ह्या टप्प्यात बुधवारा मतदान जातलें. भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल हुगली जिल्ह्यांतल्या आरामबाग आनी उत्तर 24 परगना जिल्ह्यांतल्या बनगांव हांगा भौशीक रॅलींत उलोवप केलें. उपरांत कोलकातात तांणी भव्य रोडशो केलो. राज्यांत भाजपा सत्तेर आयले उपरांत हुगली देशाचें उद्देगीक केंद्र म्हूण विकसीत करतले अशें तांणी सांगलें. शेतकारांचें कल्याण हें पक्षाचें मुखेल प्राधान्य आसा अशे तांणी म्हळें.

नादिया जिल्ह्यांतल्या तेहट्टा आनी रानाघाटांत भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय मंत्री अमित शाह हाणी रॅलींनी उलोवप केलें. बायलांक आनी बेरोजगार तरणाट्यांक म्हयन्याक तीन हजार रुपया, आनी गुरवार बायलांक एकवीस हजार रुपया दिवपाचें उतर तांणी दिलें. तृणमूल कॉंग्रेसचे वरीश्ठ फुडारी अभिषेक बॅनर्जी हांणी पूर्व बर्धमान जिल्ह्यांतल्या पूर्वस्थली उत्तर हांगा एक जाहीर सभा घेतली आनी फाल्टा सावन जगन्नाथपूर मेरेन रोडशोय केलो.
केरळ, आसाम, पश्चिम बंगाल आणि तामिळनाडू या चार राज्यांसंयत, पुदुच्चेरी या एका केंद्रशासित प्रदेशातली मतमेजणी ४ मे क जातली.

FTA –
भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदीं आज नवी दिल्लींत मुक्त वेपार कबलातीचेर सयो जातल्यो अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. ही कबलात दोनूय देशामदले अर्थीक संबंद घटमूट करपाचे नदरेन म्हत्वाचें पावल. न्यूझीलंडचो

वेपार आनी गुंतवणूक मंत्री टॉड मॅक्ले हांचे बरोबर आग्रात ताजमहालाक भेट दितना गोयल हाणी सांगळे की ही कबलात जायत्या वर्सांच्या उंचेल्या पांवड्यावेल्या वाटाघाटी उपरांत निमाणी जाल्या आनी दोनूय देशांच्या फुडाऱ्यांच्या हाजिरेंत ताचेर सयों जातल्यो. येत्या पांच वर्सांत दोनूय देशां मदलो द्विपक्षीय व्यापार दुप्पट करून पांच अब्ज डॉलर्स मेरेन व्हरप हो ह्या कबलातीचो उद्देश आसा.

Heatwave –

भारतांत सध्या जायत्या वाठारांनी उष्ट्णतेची तीव्र लाट आसा, संवसारांतल्या 100 उश्ण शारांपैकी 95 शारां देशांत आसात, ताका लागून वाडट्या तापमानाच्या परिणाम विशीं हुस्को निर्माण जाला. जगभरातल्या तापमान वाढीचा कल लक्षात घेता, भारताच्या शारी आनी ग्रामीण वाठारांनी विक्रमी तापमानवाढ दिसून येता. जायत्या वाठारांनी तापमान ४० अंश सेल्सियसच्या फुडें गेलां, तर कांय सुवातींनी तें ४५ अंश सेल्सियसच्या लागीं पावलां. दिल्ली, उत्तर प्रदेशांतलें लखनऊ, महाराष्ट्रांतले नागपूर आनी अकोला, ओडिसांतलें भुवनेश्वर आनी मध्य प्रदेशांतलें भोपाळ हांगा तापमान सामान्य पातळी परस बरोच वयर गेलां, जाका लागून लोकांची भलायकी आनी सुरक्षेविशीं काळजी वाडल्या. हें वाडटें तापमान पळोवन, भारतीय हवामान खात्यान उश्णतायेक लागून जावपी दुर्येसां टाळपा खातीर जतनाय घेवची असो सल्लो जारी केला. IMDन आज दिल्ली, हरियाणा, चंदीगड, बिहार, छत्तीसगड, गुजरात, हिमाचल प्रदेश, राजस्थान, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भ वाठारांनी उष्ट्णतेच्या लाटेचो अदमास उक्तायला.

IPL –

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं लखनौच्या एकाना क्रिकेट स्टेडियमांत मॅच बरोबरीत सोंपतकच कोलकाता नाइट रायडर्सान लखनौ सुपर जायंटसाक सुपर ओव्हरीत हारयलो. एमए चिदंबरम स्टेडियमाचेर जाल्ल्या मॅचींत गुजरात टायटन्सान यजमान चेन्नय सुपर किंग्साचेर आठ विकेटींनी जैत मेळयलें. आयज दिल्लीत अरुण जेटली स्टेडियमांत दिल्ली कॅपिटल्स रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आड खेळटलो. सांजवेळा 7.30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

Announcement –

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो. निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.